**कला आनी संस्कृती खात्यावतीन “आरी” कार्यशाळेचे आयोजन**

ता. 29 ऑगस्ट 2023

कला आनी संस्कृती संचालनालयान गोंयची हस्तकलाकार श्रीमती सुनेत्रा कामत तारकर हांच्या “आरी” कार्यशाळेचें आयोजन केला. श्रीमती सुनेत्रा कामत तारकर हांणी गोंयांत साबार कडेन आरी कार्यशाळा आयोजीत करून सुमार 500 जाणांक प्रशिक्षण दिल्ले आसून कांय जाणांनी आरी कामाचो छंद जोपासला आनी ल्हान वेवसाय लेगीत सुरू केला.

ही कार्यशाळा 4 ते 8 सप्टेंबर 2023 मजगती दनपारां 2.30 ते सांजेची 5.30 मेरेन संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा घेवपात येतली. ह्या कार्यशाळेत सहभागी जावपाक इत्सुक आशिल्ल्यांनी प्रवेश अर्जा खातीर कामाच्या वेळेत कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा संपर्क करचो. कार्यशाळेखातीर 300/- रूपया प्रवेश शुल्क आकारतले. ह्या कार्यशाळेत 15 प्रशिक्षणार्थीक प्रवेश दितले. प्रवेश अर्ज संचालनालयात उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज 1 सप्टेंबर 2023 मेरेन सादर करपाक जाय. चड म्हायती खातीर 0832-2404630/631 ह्या फोन नंबराचेर संप्रक करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/674

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.